।।श्री गणपती पुजा।।

रामकृष्ण जुवारकार

।। श्री गणपती पुजा ।।

रामकृष्ण जुवारकार

नारायण मावजो,
मावजो फोटो स्टुडिओ, मडगांव-गोंय
मोबायल : 91 99236 53020

KONKANI BHASANI SANSKRITI PRATHISTAN (R) ★
World Konkani Centre
Lata Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shakthinagar,
Mangaluru,
575 016.

8471
Div → Dev.
RAM

श्री गणपती पुजा

- बरोवपी : **रामकृष्ण जुवारकार**
- पयली उजवाडावणी : **1982**
  दुसरी उजवाडावणी : **1983**
  सुदारीत आवृत्ती : **2021**
- अक्षर जुळणी : **अतुल र. पंडित**
- उजवाडावपी : **नारायण मावजो,**
  मावजो फोटो स्टुडिओ, मडगांव-गोंय
  मोबायल : 91 99236 53020
- छापपी : **रिया ग्राफिक्स**
  मोबायल : 9881409237
- **खाजगी वितरणा खातीर**

(सुचोवणी : श्री गणपती पुजा हें पुस्तक आमी रामकृष्णबाब जुवारकार हांचे पवित्र यादीक ओंपलां. रामकृष्णबाबान गणपतीची पुजा कोंकणींत हाडपाचें जें कार्य केलां ताका मोल ना. देखून ह्या पुस्तकाकूय आमी मोल दवरूंक ना. हें पुस्तक चडांत चड गणेशभक्तां मेरेन पावचें हीच आमची इत्सा, होच आमचो हावेस, हीच आमची मोख. ती फळादीक जाली जाल्यार आमच्या यत्नाचें सार्थक जालें अशें आमी म्हणन.)

दोन उतरां

भाद्रपद म्हयन्यांतले पयले पंद्रशीचे (शुक्ल पक्ष) चवथीक गणपतीची पुजा करतात. त्या दिसा श्री गणपतीची स्थापना करून, ताची पुजा करून, दुसऱ्या दिसा पंचमी तिथीक रातची गणपतीची उत्तरपुजा करून, गणपती पावोवचेली चाल आसा.

सांगून घेतिल्ल्या प्रमाण कांय जाण पांच, सात, णव, इकरा, एकवीस अशेय दीस गणपती दवरतात. मूळ संस्कृत पुजेचें हें भाशांतर केलां. हातूंत मूळचे संस्कृत पुजेची गोडी कोंकणी समजतल्यांक चडांत चड मेळची हाचो यत्न केला.

पयली आवृत्ती छापिल्ली ती रोखडीच सोंपली म्हूण रोखडीच दुसरी आवृत्ती काडची पडटा. ह्या कामांत राजहंस वितरणाचे श्री. प्रभाकर भिडे हांणी फुडाकार घेतलो म्हूण हांव तांचो उपकारी आसां.

हे आवृत्तींत पयली भाशेनूच तीन आरत्यो दिल्यात. कोणाक हेर आरत्यो जाय जाल्यार तांणी ते म्हज्या अभंग-आरती ह्या पुस्तका वयल्यान घेवं येतात.

देवादयेन कोंकणी पुजेची आनी भजनाची गोडी दिशीं-दिशीं वाडत आसा. हे आवृत्तीकूय वाचपी मायेमोगान येवकार दितले अशी आस्त बाळगितां.

बरें मागून,

– रामकृष्ण जुवारकार

व्हडलें गोंय

18.8.1983

प्रकाशकाचें मनोगत

रामकृष्ण जुवारकार हांणी कोंकणींत हाडिल्ले श्री गणपती पुजेची सुदारीत आवृत्ती तुमच्या हातांत दितना आमकां भोव खोस भोगता. रामभाऊन आपल्या जिवितांत कोंकणीची भरपूर सेवा केली. जायतें कोंकणी साहित्य तांणी रचलें आनी पुस्तक रुपान तें लोकां सामकार हाडलें. तांणी हेर भासांतलेंय साहित्य कोंकणींत अणकारलें. त्याच वांगडा तांणी कांय भक्तीरचनाय बरयल्यो. श्री म्हाळसा, श्री कामाक्षी ह्या देवतांचेर तांणी कवनां रचलीं. पूण तांची सगल्यांत म्हत्वाची आनी लोकांच्या उपेगाची रचना म्हणल्यार तांणी कोंकणींत हाडिल्ली 'श्री गणपती पूजा'.

मूळ संस्कृत पुजेचें तांणी केल्लें हें भाशांतर. ह्या भाशांतरान तांकां अव्वंर केल्यात अशें म्हणल्यार अतिताय जावची ना. मूळचे संस्कृत पुजेची गोडी तशीच दवरून केल्लें हें भाशांतर.

1982 वर्सा हे पुजेची पयली उजवाडावणी जाली. उपरांत ताच्यो कांय आवृत्त्यो आयल्यो. 2019त भौ. सुहास दलाल हांणी ताची नवी आवृत्ती काडली.

हे पुजेची खरी गरज निर्माण जाली ती कोविड काळांत. भटमाम पुजेक येवपाचे बंद जाले आनी ताका लागून लोकांक स्वताकूच गणपती पुजेक लावचो पडलो तेन्ना सगल्यांक हे श्री गणपती पुजेची याद जाली.

अजून परिस्थिती बदलूंक ना. आमचे वयलें अरिश्ट ना जावंक ना. अश्या समयार हे पुजेची लोकांक गरज पडुंये ह्याच विचारान आमी हे पुजेची नवी सुदारीत आवृत्ती घेवन आयल्यात. गरज पडल्यार हें पुस्तक कोणेय काडचें अशी रामभाऊंची इत्सा आसली. तांची इत्सा आनी लोकांची गरज मतींत घेवन आमी ह्या पुस्तकाची सुदारीत आवृत्ती उजवाडायल्या.

हे सुदारीत आवृत्तींत कसल्योच चुकी उरच्यो नात हाची आमी जतनाय घेतल्या तरी पूण चुकून खंयूय कसलीय चूक उरल्या आसत तर आमकां समजून घेवचें.

हें पुस्तक उजवाडावपाक भौ. दत्ता नायक सुकेरकार आनी भौ. अभयकुमार वेलींगकार हांचें मोलादीक योगदान लाबलां. तांचे आमी मना काळजा सावन उपकारी आसात. ह्या पुस्तका खातीर जांचो प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष हातभार लागला तांकां सगल्यांक देव बरें करूं.

– नारायण मावजो

मावजो फोटो स्टुडियो
मडगांव –गोंय
मोबायल : 9923653020

पुजेची पूर्वतयारी

1. तांब्याचो तांबयो, पळी, पंचपात्र, पडगो, 3 व्हड आनी 1 ल्हान दिवली, एकारत, पंचारत, घांट.
2. गंध, शेंदूर, कुकूम, हळद, अष्टगंध, बुको, पिड्डुको, 3 जानवीं, कापसाचीं वस्त्रां : गणपतीक आनी पार्वतीक पिंजर लायिल्लीं दोन वस्त्रां आनी म्हादेवाक सादें वस्त्र.
3. 32 खावचीं पानांचो एक विडो, 2 पानांचे विडे, म्हादेवाक देंठ आशिल्लो सोलीनाशिल्लो 1 नाल्ल, गणेस पुजेक 1 नाल्ल, सुपाऱ्यो, दक्षणा.
4. पंचामृताक दूद, धंय, तूप, म्होंव आनी साकर. निवेद्याक पंचखाद्य आनी मोदक.
5. कापूर, उजवाती, धूप, तेल, वाती.
6. माटोळेक बांदपाक मेळटा त्या प्रमाण तरातरांचीं फळां, केळ्यां घड, पणस, नाल्ल, सुपाऱ्यां शिपटें, 51 सुटी आंब्या पानां तोरणाक, नाल्लां पेंड.
7. तांबडीं फुलां, 108 आनी 21 दुर्वो, निवेद्य दाखोवपाक कांय सुटयो दुर्वो, 108 बेल, तुळशी पानां, 21 तरेची पत्री.

(गणपतीक आनी म्हादेवाक जानवीं. कापसाच्या वस्त्रांचो एक एक जोड गणपतीक, म्हादेवाक, पार्वतीक आनी गणेसपुजेक. म्हादेवाक पिंजर लायनात. गणपतीक शेंदूर, म्हादेवाक अष्टगंध, पार्वतीक हळद-कुकूम, गळ्यांत पिड्डुको आनी मणी. गणपतीक दुर्वो, म्हादेवाक बेल, गौरीक पत्री.)

फुडें फकत गणपतीची पुजा दिल्या. गणपती वांगडा म्हादेव-पार्वतीची पुजा करची.

म्हादेव-पार्वतीचीं चित्रां लावन तांची पुजा करपाची चाल आसा. गणपतीचे पुजे वांगडाच गंध, फूल, धूप, दीप, निवेद्य आदी सेवांनी म्हादेव-पार्वतीची पुजा करची. त्या वेळार म्हादेव-पार्वतीक वायणां दवरचीं. ताका हळद-कुकूम लावन गंध फूल घालचें आनी वायणांच्या नाल्लाचेर पिठाचीं वा कसल्याय धातूचीं निरंजनां पेटोवन दवरचीं.

माटोळेचो नाल्ल आंब्या ताळ्या सयत बांदचो. पंचमी दिसा गणपती म्हऱ्यांत नवें भाता कणस दवरचें. गणपतीची मांडावळ चवथीच्या पांचव्या दिसा न्हावन धुवन काडची. त्या दिसा गणेस पुजे सयत दक्षणा भटागेर पावोवची.

●●●

।। श्री गणपती पुजा ।।

।। श्री गणेशाय नमः ।।

(चवथी दिसा निवळ न्हाले उपरांत धुल्लें पुडवें न्हेसून तशेंच खांदार दुसरें वस्त्र उडोवन पाटार बसून भक्तिभावान पुजेक आरंभ करचो.)

ॐ श्री केशवाय नमः । ॐ श्री नारायणाय नमः । ॐ श्री माधवाय नमः ।

(अशीं नांवां म्हणून दरेक नांवाच्या वेळार आचमन करचें. मागीर उजव्या हातार पळयेन उदक घालून हात धुवचो. परत एक फावट आचमन करचें आनी मागीर हात जोडून फुडलीं नांवां म्हणचीं.)

गोविंदाय नमः । विष्णवे नमः । मधुसूदनाय नमः । त्रिविक्रमाय नमः। वामनाय नमः ।
श्रीधराय नमः । हृषिकेशाय नमः । पद्मनाभाय नमः । दामोदराय नमः । संकर्षणाय नमः ।
वासुदेवाय नमः । प्रद्युम्नाय नमः । अनिरूद्धाय नमः । पुरूषोत्तमाय नमः ।
अधोक्षजाय नमः । नारसिंहाय नमः । अच्युताय नमः । जनार्दनाय नमः ।
उपेंद्राय नमः । हरये नमः । ॐ श्री श्रीकृष्णाय नमः ।

(हातांत अक्षता घेवन हात जोडचे आनी गणेस पुजा करची.)

गणेश पुजा :

(खंयच्याय कार्या आर्दी गणपतीची पुजा करपाची आसता. ताटांत तांदूळ, नाल्ल, खावर्चीं पानां, सुपारी, गोडाचो नाजाल्यार हेर तसलोच निवेद्य दवरून गंध, फूल, दुर्वा, शेंदूर, कापसाचें वस्त्र अर्पण करचें आनी धूप, दीप, निवेद्य दाखोवचो. मागीर हात जोडून प्रार्थना करची आनी फुडल्या संकल्पाक सुरवात करची.)

कोटिसूर्याच्या उजवाडा प्रमाण वक्रतुंड
विशाल कायेच्या श्री महागणपतीक नमन
सगर्ळी कार्यां विर्विघ्न करून घे

संकल्प :

श्री महागणपतीक नमन । इष्टदेवतेक नमन । कुळदेवतेक नमन । ग्रामदेवतेक नमन ।
स्थानदेवतेक नमन । वास्तुदेवतेक नमन । सुर्यादि नवग्रहांक नमन ।
ब्रह्मादि सगल्या देवांक नमन । सुरू केल्लें कार्य निर्विघ्नं जावं ।

सुमुख कपिल विकट विघ्ननाशी गणराज
हतयावरी कान, एक दांत, उदर लांब

धुम्रकेतु गणाध्यक्ष भालचंद्र गजानन
बारा वर्णनांनी नांवां म्हळ्यार वा आयकल्यार

भायर सरतना, प्रवेश करतना, विवाह म्हुर्तार
संकट काळार तशेंच संग्रामांत केन्नाच विघ्न येना

हांसतें तोंड, चंद्राची कांत, चार भुजां सोबतल्या
धवें वस्त्र न्हेशिल्ल्या देवाचें स्तवन विघ्नां ना करता

मंगलांत मंगल, शरण गेल्ल्यांचें सर्वार्थ साध्य करपी
शिवे, त्र्यंबके, नारायणी, गौरी तुका नमस्कार

जाच्या काळजांत भगवान मंगलरूपी हरि
ताका कसल्याच कार्यांत अमंगल येना

लक्ष्मीपतीच्या चरणांचें स्मरण तोच वेळ, तोच दीस बरो
तेंच ताराबळ तेंच चंद्रबळ तेन्नाच विद्याबळ आनी दैवबळ

जाच्या हृदयांत जनार्दन इंदिरावर श्याम
थंयच लाव, थंयच जय, ताका पराजय खंय?

विनायक, गुरू, सूर्य, ब्रह्मा, विष्णू, महेश, सरस्वती
सर्व कार्य सिद्धीक व्हरूंक तुमकां प्रणाम करतां

त्रिभुवनाचे देव ब्रह्मा, विष्णू, महेश
सगल्या आरंभलेल्या कार्यांत सिद्धी दिवं

श्रीमत भगवान महापुरूष विष्णूचे आज्ञेन चलतल्या ब्रह्मदेवाच्या युगाच्या ह्या दुसऱ्या अर्दांत, श्री श्वेतवाराह कल्पांत, वैवेस्वत मन्वंतरांत, अठ्ठाविसाव्या युगांत, कलियुगांत, कलिच्या प्रथम

चरणांत, भरतवर्षांत, भरतखंडांत, जंबुद्विपांत, दंडकारण्यांत, गोदावरीचे दक्षिणेक, शालिवाहन शकांत, बौद्धावतारांत, रामक्षेत्रांत, सध्याच्या (अमक्या...) * संवत्सरांत, दक्षिणायनांत, वर्षा ऋतूंत, भाद्रपद म्हयन्यांत, शुक्लपक्षांत, चवथीचे तिथीक, (अमक्या...) * वारा, अशा अनेक योगांनी विशेश अश्या शुभ दिसा, श्रुती, स्मती, पुराणांत सांगिल्ल्या फळाचे प्राप्तीक, आमकां कुटुंबांत, परिवारांत, सगळ्यांक क्षेम, स्थैर्य, आयुश्य, आरोग्य ऐश्वर्य चडांत चड प्राप्त जावंक, आमची सगलीं संकश्टां पयस जावंक आनी सगल्यांचो उत्कर्श जावंक यथा बुद्दीन यथा शक्तीन जशी मेळटा ते पुजा सामुग्रीन प्रतिवार्षिक चाली प्रमाण श्री सिद्धिविनायक गणपतीची पुजा करतां. तशीच ताका लागून कलश, शंख, घंटा, दीप पुजा आनी मुर्तीची प्राणप्रतिष्ठा करतां. पयलीं महागणपतीचें स्तवन करतां.

(अशें म्हणून हातांतल्यो अक्षता उजव्या हातांत घेवन ताचेर उदक घालून तें उदक अक्षता सयत पडग्यांत सोडचें.)

* : अमक्या म्हळां थंय पंचागांत वर्साच्या संवत्सराचें नांव दिल्लें आसता तें म्हणचें फुडें त्या दिसा येता त्या वाराचें नांव म्हणचें. त्याच प्रमाण त्या दिसाची रास आनी नक्षत्र खबर आसल्यार अमकी रास, अमकें नक्षत्र हाचोय उच्चार करचो.

तांबयाची पुजा :

कलशाच्या मुखांत विष्णू, कंठांत रूद्र आसा
तळाक ब्रह्म आनी मर्दीं मातृगण आसात
कुशीक सप्तद्वीप पृथ्वीचे सगले सागर
ऋग्वेद, यजुर्वेद, सामवेद आनी अथर्ववेद
ह्या कलशांत आपल्या सगल्या आंगां सयत आसात

हातूंत शांती पुष्टि करपी गायत्री सावित्री
पापनाश करपी तुमी देवपुजेक येयात
तशेंच गंगा, यमुना, गोदावरी, सरस्वती,
नर्मदा, सिन्धु, कावेरीचें उदक हातूंत येवं.

(तांबयाक गंधफूल घालचें.)

शंख पुजा :

शंखाच्या तोंडार चंद्रदैवत, कुशीक वरूणदेवता
फार्टीं प्रजापति फुडें गंगा सरस्वती

वासुदेवाचे आज्ञेन त्रैलोक्यांतलीं तीर्थां हातूंत रावतात. सागरांतल्यान उत्पन्न जाल्ल्या विष्णूच्या हातांत सोबतल्या ज्या पांचजन्य शंखाक सगले नमस्कार करतात त्या शंखाक गंधफूल घालून नमस्कार करतां.

(शंखाक गंधफूल घालून नमस्कार करचो.)

घंटा पुजा :

देवांक आपोवंक, राक्षसांक धांवडावंक,
देवता येवचें लक्षण अशी घांट वाजयतां

(घांट वाजोवन तिका गंधफूल घालचें.)

दिव्याची पुजा :

ब्रह्मरुप अशी अखंड ज्योत
दिव्य तेजांतलें उत्तम तेज
हांगा दीप दवरतां
म्हाका शांतिकारक जावं
परंधाम आत्मज्योत
अशा दिव्याक नमस्कार करतां.

(दिव्याक गंध, फूल घालून नमस्कार करचो.)

प्राणप्रतिष्ठा :

हांगा प्राण स्थापन जावं
प्राणाचो संचार जावं
पुजा अर्चा करूंक हांगा देवत्व येवं
साळकावरी तांबड्या हातांत
पाश धनुष्य अंकुश पंचबाण
आनी रक्तपात्र धरिल्ली
पुश्ट छातयेची, तीन दोळ्यांनी रसरसपी
निकत्याच उदेल्ल्या सुर्याच्या वर्णाची
प्राणशक्ती हांगा येवं आनी सुखकारी जावं

(दुर्वेक इल्लें म्होंव लावन तें मुर्तीच्या दोळ्यांक लावचें आनी दोळे उक्ते केल्यात आनी मुर्तींत देवत्व आयलां अशी श्रद्धा मनांत धरची. मागीर गणपतीच्या पांयार गंध, फूल, अक्षता घालून नमस्कार करचो. साकरेचो निवेद्य दाखोवचो)

मंटप पुजा :

लकलकीत भांगराचो, प्रशस्त, सोबीत,
स्फटिका भशेन वण्टी, शुद्ध भांगराचे खांब
मोतयांच्यो जाळीं आनी ताच्या सोंपणांक वज्रां
जाचे कळस नाना रत्नांनी सोबतात
दारांर रत्नराज खचित झालरी
रत्नांनी चितारलेर्ली शंख, पद्म, स्वस्तिकां
जंय माणकां पण्ट्यांनी दिवे पेट्टात
असो लक्ष्मीचो विलासूच सोबतलो
हो मंटप अशें मनांत धरून मंटपाक गंध फूल घालतां

(मंटपाक गंध फूल घालचें)

अपवित्र जावं पवित्र
खंयचेय स्थितींत आसल्यार
कमलनयनाचें स्मरण केल्यार
भायर भितर शुद्धी जाता
पुजा सामुग्रीचेर आनी स्वताचेर प्रोक्षण करतां.

(दुर्वा आनी तुळशीपान उदकांत भिजोवन सगल्याक फांफुडचें. मागीर 'हेरम्बाय नमः' अशें म्हणून मूर्त तयार करूंक माती हाडल्या अशी कल्पना करची. 'सुमुखाय नमः' अशें म्हणून मूर्त तयार केली अशी कल्पना करची. गणपतीची मूर्त सोबीत आसनाचेर जाय तशी सारकी दवरची. आतां विसर्जन जायसर ती हालोवंक उपकरना. मागीर गणेश मुर्तीच्या काळजाक आपल्या उजव्या हाताचो आंगठो लावन फुडलीं उतरां म्हणचीं.)

सोळा पुजा-सेवा :

(आवाहन, आसन, पाद्य, अर्घ्य, आचमन, स्नान, वस्त्र, जानवें, गंध, फूल, धूप, दीप, निवेद्य, विडो, दक्षणा आनी नमस्कार अश्यो सोळा पुजा-सेवा आसात.)

ध्यान :

(पयलीं नमस्कार करून ध्यान करचें)
सुपा सारके जाचे कान आनी एक दांत चार भुजां
तापलेल्या भांगरावरी जाचो आंगाचो वर्ण
हातांत पाश, अंकुश, आंगभर भुषणां अळंकार
त्या सिद्धिविनायकाचें हांव ध्यान करतां

(ह्याप्रमाण गणपतीचें ध्यान करून एक फूल अर्पण करचें.)

आवाहन :

विघ्नेश, सर्वज्ञ, अनाथानाथ
इंद्रादि देव जाका पुजतात
त्या गणेशाक पुजूंक हांव आपयतां

(गणपती पुजेक आपोवपाच्या अर्थान अक्षता अर्पण करच्यो)

आसन :

तरेकवार रत्नांनी रचिल्लें
विघ्नहर्त्या हें बसूंक आसन घे

(गणपतीच्या आसनार अक्षता उडोवच्यो)

पांयार उदक :

हें निवळ नितळ उदक
गंध कापूर परमळाचें
गणराजा पांय धुवंक घे

(गणपतीच्या पांयार उदक घालचें)

अर्घ्य :

गंध फूल फळ अक्षतां सयत
गणाध्यक्षा तुका अर्घ्य दितां
करूणाकरा, तुका नमस्कार करतां
हें अर्घ्य घे

(पळीभर उदकांत गंध, अक्षता, सुपारी घालून गणपतीक अर्पण करचें)

हो धंय तूप म्होंवाचो मधुपर्क हांवें हाडला
सर्वलोकेश गणनाथा तो तूं घे

(धंय, तूप आनी म्होंव पळयेंत उदकांत घालून तो मधुपर्क गणपतीक अर्पण करचो.)

आचमन :

सिद्धिविनायका तुका वन्दन करतां
हें शुद्ध उदक हाडलां तें घेवन आचमन कर

(गणपतीच्या उजव्या हातार आचमनाक उदक घालचें)

स्नान :

पवित्र गंगेच्या उदका सारकें
हें उत्तम उदक तुका न्हावंक हाडलां
आंग निवळ करूंक हें न्हावंक घे

(गणपतीक न्हावंक उदक घालचें)



पंचामृत स्नान

(गणपतीची मूर्त मातयेची आशिल्ल्यान दुर्वा भिजोवन गणपतीच्या पांया कडेन फांफडून स्नान घालचें)

कामधेनू पसून उत्पन्न जाल्लें
हें परम पवित्र दूद
गणनायका, तूं न्हावंक घे

(न्हावंक दूद घालचें)

दुदान न्हाले उपरांत हें शुद्ध उदक न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

चंद्राच्या धव्या मंडळा सारकें
सगल्या देवांचें रुचीचें
गणेशा, तुका धंय न्हावंक घालतां

(धंय न्हावंक घालचें)

धंयान न्हाले उपरांत हें शुद्ध उदक न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

यज्ञांत मुख्य, देवाचो आहार
अशें परम पवित्र तूप हाडलां
गणनाथा हें न्हावंक घे

(तूप न्हावंक घालचें)

तुपान न्हाले उपरांत शुद्ध उदक न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

सगल्या औषधीं पसून जाल्लें
अमृता सारकें म्हौंव हाडलां
गिरिजासुता हें न्हावंक घे

(म्हौंव न्हावंक घालचें)

म्हौंवान न्हाले उपरांत हें शुद्ध उदक न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

उसा पासून उत्पन्न धवीफुल्ल,
मोटे भक्तीन ही साकर हाडल्या
गणनाथा, ही तुका न्हावंक घे

(साकर न्हावंक घालची)

साकरेच्या स्नाना उपरांत शुद्ध उदक न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

एळ, कापूर, सुंगधी अर्क घाल्लें
हें गंधाचें उदक, गणराजा न्हावंक घे

(उदक न्हावंक घालचें)

गंधोदकान न्हाले उपरांत शुद्ध उदक न्हावंक घे

(गंधाचें उदक न्हावंक घालचें)

तेलासवें लक्ष्मी, उदकासवें गंगा
हें तेलाचें मंगलस्नान कर

(गणपतीक सुगंधी तेल म्हळ्यार अत्तर बी लावन उदक न्हावंक घालचें)

नाना तीर्थां सारकें, तापोवन हाडिल्लें
हें उष्ण उदक, करूणाकरा न्हावंक घे

(गरम उदक न्हावंक घालचें)

सर्व सेवां प्रीत्यर्थ गंध फूल अक्षता तुका अर्पण करतां

(गंध, फूल, अक्षता अर्पण करच्यो)

अभिशेक

(फुडें दिलां तें गणपतीचें स्तवन म्हणून दुर्वांनी गणपतीच्या पांयांचेर उदक फाफडून अभिशेक करचो.)

गणपतीक नमन । तूं प्रत्यक्ष तत्व आसा ।
तूंच कर्तो आसा । तूंच धारण करपी आसा ।
तूंच हर्तो आसा । तूं साक्षात नित्य आत्मो आसा ।
उजू उलयतां । खरें उलयतां ।

तूं म्हाका राख । तुजे कृपेन उलयतां । तुजे कृपेन आयकतां । तुजे कृपेन दितां । तुजे कृपेन घेतां । तुजे आज्ञेन चलतां । म्हाका फाटीं-फुडें सांबाळ । दाव्या-उजव्यान सांबाळ । वयर सकयल आसमंताक सगल्याक सांबाळ ।

तूं वाचा । तूं चित्त । तूं ब्रह्मानंद । तूं सच्चिदानंद । तूं प्रत्यक्ष ब्रह्म । तूं ज्ञानमय । तूं विज्ञानमय ।

जग तुजे पसून जाता । तुजे ठांय रावता । तुज्यांतूच विलीन जाता । तुज्या गुणान कळटा । तूं भूमी, तूं उदक, तूं वायू, तूं आकाश । तूं चारूय तरांची वाणी-वाचा ।

तूं तीन गुणां पेल्यान । तीन अवस्था, तीन देह, तीन काळां पार । तूं मूळ कारण, तूं आधार, तूं नित्य । तुज्या ठांय तीन शक्ती । तुजें योगी नित्य ध्यान करतात । तूं ब्रह्म, तूं विष्णू, तूं रुद्र, इंद्र तूं, अग्नी तूं, वायू तूं । सूर्य, चंद्र, ब्रह्म, तिनूय लोक तूं । तूं ॐ ।
ॐ गं गणपतीक नमन ।

एकदंताचें गिन्यान करतां । वक्रतुंडाचें ध्यान करतां । तो दंतयुक्त देव आमकां सन्मार्गाक लावं ।

एकदंत, चतुर्भुज, पाश–अंकुश, हातांत धरला । एका हातांत दांत, दुसऱ्या हातान वर दिता, हुंदरार बसला । रक्तवर्ण, विशाल उदर, सुपा सारके कान, तांबडें वस्त्र न्हेसला । आंगाक रक्तचंदन लायलां, तांबड्या फुलांनी पुजला ।

भक्तांचेर उपकार करपी, जगाचें मूळ कारण, अविनाशी । सृश्टीच्या आरंभा पयलीं आसलेलो । प्रकृति पुरुषापेल्यान आसलेलो । अशें ध्यान करतलो योगी व्हड आसता ।

नमन गणपतीक, तूं व्रत करतल्याक राखता । ल्हान व्हडांक राखता । विघ्ननाश करता । वर दितल्या गणपतीक नमन ।

(अभिशेक केले उपरांत 'आचमन करूंक उदक घे' म्हणून गणपतीच्या हाताचेर उदक दुर्वांनी फाफुडचें. मागीर 'सर्व सेवा प्रीत्यर्थ गंध, फूल, अक्षता तुका अर्पण करतां' अशें म्हणून गंध फूल अक्षता घालच्यो)

स्नाना नंतर आचमन कर
(हातार उदक घालचें)
भांगर रत्नांनी घडयिल्ल्या
उत्तम आसनाचेर आतां बस
आनी पुजेचो स्विकार कर

वस्त्र :

हीं दोन तांबडीं वस्त्रां लक्क भांगराचीं कशीं
तुज्या आंगाक बरीं सोबतलीं
शिवपुत्रा, हीं न्हेसूंक घे
(कुकूम लायिल्लीं दोन कापसाचीं वस्त्रां गणपतीक घालचीं)

जानवें :

रुप्या रंगाचें जानवें, भांगरा रंगाचो शेलो,
सर्वज्ञा, उपवस्त्र घे आनी भक्तांक वर दी
यज्ञोपवीत तुका अर्पण करतां
(गणपतीक जानवें घालचें. ते गणपतीच्या दाव्या खांदा वयल्यान उजव्या हाता सकयल येता अशें घालचें.)

नानातरांचे हे भांगरा रत्नांचे सोबीत अळंकार
पार्वती प्रियनंदना, आतां तुज्या आंगार घालतां
(गणपतीक अळंकार घालचे जावं 'अळंकारांच्या बदला अक्षता अर्पण करतां' अशें म्हणून अक्षता उडोवच्यो.)

गंध :

हें कस्तुरी, कापूर, कुकूम मिश्रीत बऱ्या वासाचें
सिद्धिविनायका आंगाक लावंक गंध घे

(करंगळी लागच्या बोटान गणपतीक गंध लावचें)

उदेत्या सुर्या सोबेचो
अस्तमत्या सुर्या रंगाचो
वीराक अळंकार सोबपी
हो शेंदूर लायतां
(गणपतीक शेंदूर लावचो. तशेंच बुको आनी गुलाल अर्पण करचो.)

आतां ऋद्धि-सिद्धिक हळदकुकूम
सौभाग्य अळंकार अर्पण करतां

(अशें म्हणून गणपतीच्या ठांयच ऋद्धि-सिद्धि आसात अशें स्मरण करून हळदकुकूम अर्पण करचो.)

विश्वरूपी परमेश्वरा,
चान्न्याची शितळसाण, घमघमीत वास,
तरातरांच्या सुगंधी द्रव्यापासून केल्लो
हो परमळ लायतां
(अत्तर बी सुगंधी परमळ लावचो)

फुलां :

तरातरांचीं बरीं बरीं वासाचीं फुलां
कण्हेर, चांफो, जायो, वोंवळां
पारजत, साळकां, हातो, केसरां
आनी तुका आवडटात तीं तांबडीं तांबडीं फुलां
गणपती, हांवें तुजे पुजेक हाडल्यांत
तीं तुका ओंपतां

(तरांतरांचीं फुलां तश्योच दुर्वा आनी शमीचीं पानां घालचीं)

अंगपुजा :

(अक्षता घेवन गणपतीच्या पांया पासून मस्तकापर्यंत आंगाच्या ज्या ज्या भागाचें नांव घेता त्या प्रमाण थंय थंय उडोवच्यो)

गणेश्वराक नमन । पांय पुजतां।
विघ्नराजाक नमन । धोंपर पुजतां ।
आखुवाहनाक नमन । जांगो पुजतां ।
हेरंबाक नमन । कमर पुजतां ।
कामारिसूनूक नमन । नाभि पुजतां ।
लंबोदराक नमन । पोट पुजतां ।
गौरीपुत्राक नमन । छाती पुजतां ।
गणनायकाक नमन । ह्रदय पुजतां ।

स्थूलकर्णाक नमन । गळो पुजतां ।
स्कंदाग्रजाक नमन । खांदे पुजतां ।
पाशहस्ताक नमन । हात पुजतां ।
गजवक्त्राक नमन । तोंड पुजतां ।
विघ्नहर्त्याक नमन । लल्लाट पुजतां ।
सर्वेश्वराक नमन । माथें पुजतां ।
गणपतीक नमन । सर्वांग पुजतां ।

(मागीर गणपतीक पत्री अर्पण करच्यो)

सुमुखाक नमन । मोगरे पान अर्पण करतां ।
गणाधिपाक नमन । माक्या पान अर्पण करतां ।
उमापुत्राक नमन । बेल अर्पण करतां ।

गजाननाक नमन । धव्यो दुर्वा अर्पण करतां ।

लंबोदराक नमन । बोरी पान अर्पण करतां ।

हरपुत्राक नमन । धुतऱ्या पान अर्पण करतां ।

गजकर्णाक नमन । तुळशी पान अर्पण करतां ।

वक्रतुंडाक नमन । शमीपान अर्पण करतां ।

एकदन्ताक नमन । आघाड्या पान अर्पण करतां ।

विकटाक नमन । कणेरीचें पान अर्पण करतां ।

कपिलाक नमन । रुईचें पान अर्पण करतां ।

गजदन्ताक नमन । अर्जुनाचें पान अर्पण करतां ।

विघ्नराजाक नमन । विष्णूक्रांताचें पान अर्पण करतां ।

बटूक नमन । दाळमीचें पान अर्पण करतां ।

सुराग्रजाक नमन । सुरूचें पान अर्पण करतां ।

भालचंद्राक नमन । कलमाचें पान अर्पण करतां ।

हेरंबाक नमन । पिंपळाचें पान अर्पण करतां ।
चतुर्भुजाक नमन । जाये पान अर्पण करतां ।
विनायकाक नमन । हात्या पान अर्पण करतां ।
सर्वेश्वराक नमन । अगस्तीचें पान अर्पण करतां ।

गणपतीचीं 108 नांवां घेवन दुर्वा ओंपच्यो

1. ॐ विघ्नेशाय नमः
2. ॐ विश्ववरदाय नमः
3. ॐ विश्वचक्षुषे नमः
4. ॐ जगत्प्रभवे नमः
5. ॐ हिरण्यरुपाय नमः
6. ॐ सर्वात्मने नमः
7. ॐ ज्ञानरुपाय नमः
8. ॐ जगन्मयाय नमः
9. ॐ उर्ध्वरेतसे नमः
10. ॐ महाबाहवे नमः
11. ॐ अमेयाय नमः
12. ॐ अमितविक्रमाय नमः
13. ॐ वेदवेद्याय नमः
14. ॐ महाकालाय नमः
15. ॐ विद्यानिधये नमः
16. ॐ अनामयाय नमः
17. ॐ सर्वज्ञाय नमः
18. ॐ सर्वगाय नमः
19. ॐ शांताय नमः
20. ॐ गजास्याय नमः

21. ॐ चित्तेश्वराय नमः
22. ॐ विगतज्वराय नमः
23. ॐ विश्वमूर्तये नमः
24. ॐ अमेयात्मने नमः
25. ॐ विश्वधाराय नमः
26. ॐ सनातनाय नमः
27. ॐ सामगाय नमः
28. ॐ प्रियाय नमः
29.ॐ मंत्रिणे नमः
30. ॐ सत्वधाराय नमः
31. ॐ सुराधिशाय नमः
32. ॐ समस्तसाक्षिणे नमः
33. ॐ निर्द्वंद्वाय नमः
34. ॐ निर्लोकाय नमः
35. ॐ अमोघविक्रमाय नमः
36. ॐ निर्मलाय नमः
37. ॐ पुण्याय नमः
38. ॐ कामदाय नमः
39. ॐ कांतिदाय नमः
40. ॐ कामरूपिणे नमः
41. ॐ कामपोषिणे नमः
42. ॐ कमलाक्षाय नमः
43. ॐ गजाननाय नमः
44. ॐ सुमुखाय नमः
45. ॐ शर्मदाय नमः
46. ॐ मूषकाधिपवाहनाय नमः

47.ॐ शुद्धाय नमः	48. ॐ दीर्घतुंडाय नमः
49. ॐ श्रीपतये नमः	50. ॐ अनंताय नमः
51.ॐ मोहवर्जिताय नमः	52. ॐ वक्रतुंडाय नमः
53. ॐ शूर्पकर्णाय नमः	54. ॐ परमाय नमः
55. ॐ योगीशाय नमः	56. ॐ योगधाम्ने नमः
57. ॐ उमासुताय नमः	58. ॐ आपद्धंत्रे नमः
59. ॐ एकदंताय नमः	60. ॐ महाग्रीवाय नमः
61. ॐ शरण्याय नमः	62. ॐ सिद्धसेनाय नमः
63. ॐ सिद्धवेदाय नमः	64.ॐ करुणाय नमः
65.ॐ सिद्धाय नमः	66. ॐ भगवते नमः
67. ॐ अव्यग्राय नमः	68. ॐ विकटाय नमः
69. ॐ कपिलाय नमः	70. ॐ ढुंढिराजाय नमः
71.ॐ उग्राय नमः	72. ॐ भीमोदराय नमः

73. ॐ शुभाय नमः

74. ॐ गणाध्यक्षाय नमः

75. ॐ गणेशाय नमः

76. ॐ गणराध्याय नमः

77. ॐ गणनायकाय नमः

78. ॐ ज्योतीःस्वरूपाय नमः

79.ॐ भूतात्मने नमः

80. ॐ धूम्रकेतवे नमः

81. ॐ अनुकुलाय नमः

82. ॐ कुमारगुरवे नमः

83. ॐ आनंदाय नमः

84. ॐ हेरंबाय नमः

85. ॐ वेदस्तुताय नमः

86. ॐ नागयज्ञोपवितिने नमः

87. ॐ दुर्धर्षाय नमः

88. ॐ बालदूर्वांकुरप्रियाय नमः

89. ॐ भालचंद्राय नमः

90. ॐ विश्वधात्रे नमः

91. ॐ शिवपुत्राय नमः

92. ॐ विनायकाय नमः

93. ॐ लीलासेविताय नमः

94. ॐ पूर्णाय नमः

95. ॐ परमसुंदराय नमः

96. ॐ विघ्नांधकाराय नमः

97.ॐ सिंदूरवरदाय नमः

98. ॐ नित्याय नमः

99. ॐ विभवे नमः

100.ॐ प्रथमपूजिताय नमः

101.ॐ दिव्यपादाब्जाय नमः

102.ॐ भक्तमंदराय नमः

103.ॐ शूरमहाय नमः

104. ॐ रत्नसिंहासनाय नमः

105.ॐ मणिकुंडलमंडिताय नमः

106. ॐ भक्तकल्याणाय नमः

107. ॐ कल्याणगुरवे नमः

108. ॐ सहस्त्रशीर्ष्णे नमः

109. ॐ महागणपतये नमः

धूप :

वनस्पती रसा पसून जाल्लो
मन भुलोवणो हो सुगंधी धूप
सर्वदेवेशा उमापुत्रा हाचो उत्तम वास घे

(धुपाची आरत जावं उजवात उंवाळची)

दीप : एकारत

त्रैलोक्यांतलो काळोख ना करपी
सर्वज्ञ सर्वलोकेशा गणपती
हो मंगल दीप दाखयतां

(निरंजन पेटोवन घांट वाजयत उंवाळचें)

निवेद्य :

धंय, दूद, तूप, साकर, खाद्य, अन्न, आहार,
हो निवेद्य घेवन देवा म्हजी भक्ती मानून घे
इत्सा केल्लो वर दी आनी बरी गती दी
शिवपुत्रा हो निवेद्य घे

(उदकान चौकोनी मंडळ करून ताचेर निवेद्याचीं आयदनां दवरिल्लीं आसचीं. मागीर दुर्वा घेवन निवेद्याचेर उदक फाफुडचें. आपले दोळे वस्त्रान धांपून निवेद्याचो एक-एक घांस देवाक दितां अशें उजव्या हातान दाखयत फुडलीं उतरां म्हणून निवेद्य दाखोवचो.)

प्राणाक नमन । अपानाक नमन । व्यानाक नमन ।
उदानाक नमन । समानाक नमन । ब्रह्माक नमन ।

(मागीर फुडलीं उतरां म्हणून तीन फावटी पळयेन पडग्यांत उदक सोडचें आनी मागीर गंध, फूल घालचें.)

पियेवंक उदक घे
हात धुवंक उदक घे
तोंड धुवंक उदक घे
हाताक लावंक गंध घे

विडो :

पानवेलीच्या रसरसीत पानांचो, उत्तम फोफळाचो,
एळ, कापूर, लवंग घालून सुवासीक केल्लो
सिद्धिविनायका, हो विडो मुखवासाक घे.

(विडो दवरचो आनी ताचेर उदक सोडचें)

दक्षणा :

म्हाका पुण्यफळ आनी शांती दी
आनी वैभव प्राप्त करून दी
ही भक्तीन दिल्ली दक्षणा घे

(विड्याच्या पानाचेर दक्षणा दवरची आनी उदक सोडचें)

देवा, हें तुजे फुडें हांव फळ दवरतां
जल्म जल्माचें म्हाका बरें फळ दी

(गणपती फुडें नाल्ल दवरचो आनी ताचेर उदक सोडचें)

(आतां एकवीस दुर्वा घेवच्यो. तातूंतली दर खेपेक दोन दुर्वांची एक जुडी घेवन गंध लावन अक्षता आनी फुलां सयत फुडें दिलां तें एक-एक नांव घेवन गणपतीक वीस दुर्वा अर्पण करच्यो. मागीर सगलीं एके फावटीन नांवां घेवन एकविसावी दुर्वा अर्पण करची)

गणाधिपा नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
उमापुत्रा नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
अघनाशना नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
विनायका नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
ईशपुत्रा नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
सर्वसिद्धिप्रदायका नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
एकदन्ता नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
इभवक्त्रा नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।

आखुवाहना नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।
कुमारगुरू नमन । दुर्वा जोडी अर्पण करतां ।

(मागीर एकविसावी दुर्वा अर्पण करची)

गणाधिपा, उमापुत्रा, अघनाशना,
विनायका, ईशपुत्रा, सर्वसिद्धिप्रदायका,
एकदन्ता, इभवक्त्रा, मूषकवाहना, कुमारगुरू
ही एक दुर्वा अर्पण करतां

व्हडली आरत : पंचारत / जोडव्याची आरत

तूंच चंद्र, सूर्य, धरणी, तूंच वीज, अग्नि,
तूंच सगल्यो ज्योती तुका नमन करतां
तुका आरत दाखयतां
(आरती उंवाळच्यो)

कापरा आरत :
अज्ञान अंधार ना करपी
लख्ख उजवाड दिवपी
परमेश्वरा, कापराची आरत तुका दाखयतां

मंत्रपुष्प :

राजाधिराजाचें वैभव तूं प्राप्त करून दिवपी
कुबेर आनी सगल्यो देव-देवता तुज्योच
व्हडांत व्हड कार्यां तूं सिद्ध करून दिवपी
गणराजा, म्हाका धन, आयुश्य, आरोग्य,
वैभव दी, म्हज्यो सगल्यो कामना पूर्ण कर
श्री सिद्धिविनाका, तुका मंत्रपुष्प अर्पण करतां

(मंत्रपुष्प म्हणटना उजव्या पोशांत गंध, अक्षता, फुलां घेवचीं. तांचेर उदक घालचें. मागीर तीं गणपतीक अर्पण करचीं.)

प्रदक्षिणा :

जीं जीं पातकां ह्या जल्मांत वा पूर्वजल्मांत
घडल्यांत तीं तीं प्रदक्षिणेच्या पावलां कणकणीं
ना जातात, श्रीसिद्धिविनायका, तुका प्रदक्षिणा घालतां

नमस्कार :

काया, वाचा, मन, एकठावन शिर, छाती सयत
आठ आंगां जमनीक लावन गणपती, तुका पांयां पडटां

(साश्टांग नमस्कार करचो)

अर्घां :

श्री सिद्धिविनायका प्रीत्यर्थ अर्घां ओंपतां

(अशें म्हणून उदक सोडचें. मागीर थोड्या उदकांत गंध, फूल, अक्षता घालच्यो. उजव्या हातांत सुपारी घेवन ताचे वयल्यान तें उदक सोडचें आनी अर्घां दिवचीं)

विघ्नाचो अंधार सुर्या प्रमाण ना करतल्या गजानना अर्घ ओंपतां
करूणेचो सागर तुजे साळका सारके पांय
देवांच्या देवा पांयांक वंदन करून अर्घ ओंपतां
शंकराचो मोगाचो पूत भालचंद्रा अर्घ ओंपतां
गौरीच्या पुत्रा, कार्तिक स्वामीच्या भावा, गणवक्त्रा अर्घ ओंपतां
गणेशाचे प्रितीची, तिर्थींत उत्तम तीथ, तिथी देवी चवथीक अर्घ ओंपतां

प्रार्थना :

आवाहन नकळ, अर्चना नकळ
तुजी पुजा कशी करची तीय नकळ
परमेश्वरा, क्षमा कर
पाप सरूं, दुख्ख, दारिद्र्य सरूं
तुज्या दर्शनान सूख संपत्ती येवं
रुप दी, जय दी, यश दी, द्वेश वचूं दी
संतान दी, धन दी, सगल्यो कामना पूर्ण कर
म्हजे हजारांनी अपराध नित्य घडतात
परमेश्वरा, हांव तुजो दास, म्हाका क्षमा कर
तुजें नांव घेतल्यार, तुजें स्मरण केल्यार

पुजेंत सेवेंत उणें भरून येता
अच्युता, हांव तुजें नित्य स्मरण करतां
हांव मंत्रान, क्रियेन, भक्तीन उणो
सुरेश्वरा, म्हजी सेवा परिपूर्ण कर
अल्पबुद्दीन अल्पशक्तीन मेळटा त्या पुजा साहित्यान
ही तुजी सेवा हांवें केल्या
सिद्धिविनायका, प्रसन्न जा

(उदक सोडचें, मागीर पुजेचे सुरवेक दिल्या तीं नांवां म्हणून तीन फावटी आचमन करचें)

सांजची पुजा :

जितले दीस गणपती दवरता तितले दीस दनपारची वयर दिल्या ती सोळा सेवांची पुजा करची. पूण ह्या मागीरच्या पुजां वेळार प्राणप्रतिष्ठा आनी आंग पुजा करची न्हय. ती पयलेच पुजे वेळार करची. देड, पांच, सात, णव, इकरा, एकवीस दीस गणपती दवरची चाल आसा.

सांजेची पुजा पांच सेवांची करची. ह्यो पांच सेवा म्हळ्यार गंध, फूल, धूप, दीप आनी निवेद्य.

सांजे न्हाले उपरांत धुल्लें वस्त्र न्हेसून पुजेक आरंभ करचो. पयलीं आचमन करून चोवीस नांवां म्हणचीं. मागीर श्री 'महागणपतीक नमन' पसून 'गणपतीची पुजा करतां' मेरेन वयलो संकल्प म्हळे उपरांत 'श्री सिद्धिविनायकाची सांजची पांच सेवांची पुजा करतां' अशें म्हणचें. हे पुजे वेळार फकत तांबयाची पुजा करची. तांबयाची पुजा म्हणची. मागीर 'अपवित्र जावं पवित्र' सावन 'प्रोक्षण करतां' हीं

उतरां म्हणून प्रोक्षण करचें. मागीर वयर दिल्लें ध्यान करचें. उपरांत गंध, फुलां ह्या माथाळ्या खाला वयर दिल्ली उतरावळ म्हणून गंध, फूल अर्पण करचें. धूप, दीप, निवेद्य ह्या माथाळ्या खाला दिल्ली उतरावळ म्हणून तीं अर्पण करचीं. मागीर 21 दुर्वा ओंपच्यो. व्हडल्यो आरती करच्यो. ह्यो आरती म्हळे उपरांत कापराची आरत दाखोवची. मागीर मंत्रपुष्प म्हणचें आनी प्रदक्षिणा काडून साश्टांग नमस्कार करचो. प्रार्थना करून 'ध्यान गंधादि सांजचे पांच सेवांचे पुजेन श्री सिद्धिविनायका संतुश्ट जा' अशें म्हणून उदक सोडचें आनी आचमन करचें. सगल्यांक प्रसाद वांटचो.



उत्तरपुजा आनी विसर्जन :

उत्तरपुजेकूय पयलीं वयर सांगल्या ती पांच सेवांची पुजा करची. संकल्पाच्या वेळार 'श्री सिद्धिविनायक देवता प्रीत्यर्थ पांच सेवांची पुजा करतां आनी उत्तरपुजा करतां' अशेंय म्हणचें.

पयलीं सांजचे पुजेवरीच गंध, फूल, अक्षता अर्पण केले उपरांत धूप, दीप, निवेद्य दाखोवचो आनी माटोळेचो नाल्ल फोडून देवाक निवेद्य दाखोवचो. पुजेचे अखेरेक व्हडल्यो आरती जाले उपरांत मंत्रपुष्प म्हणचें. मागीर सगल्यांनी नमस्कार करून प्रार्थना करची.

आरती, मंत्रपुष्प, प्रार्थना जाले उपरांत गणपतीक ल्हायो अर्पण करच्यो. सांगणें करचें.

'इशटकाम सिद्धीक बेगीन यो' अशें म्हणून 'आवाहन केल्ल्या दैवतांचें विसर्जन करतां' अशें म्हणचें आनी 'मंगलमूर्ती मोरया' अशें म्हणून अक्षता / ल्हायो उडोवच्यो. मागीर मूर्ती आसनाचेरूच उत्तर दिशेक इल्ली हालोवची.

न्हंयेच्या, दर्याच्या वा तळयेच्या नितळ उदकांत जावं चाली प्रमाण मुर्तीचें विसर्जन करचें.

कांय सुचोवण्यो :

1. गणेस पुजा गणपती विसर्जना उपरांत तशीच दवरची. उपरांत पुरयताक दक्षणा दिवची.
2. गणपतीची उत्तरपुजा जातकच गणपतीक विसर्जना खातीर व्हरचे आदीं म्हादेव-पार्वतीचीं पांयजेलां हालोवचीं, तुळशी वृंदावना कडेन व्हरून दवरचीं आनी मागिरूच गणपतीची मूर्त हालोवची.
3. म्हादेवा म्हऱ्यांत नाल्ल दवरचो.
4. गणपतीक 108 दुर्वो घेवन न्हाण घालचें.
5. गणपती पावयतकच बांयंतलें उदक तांब्यांत घेवन फोडिल्लो नाल्ल, तांब्यार दवरून पुजिल्ले सुवातेर दवरचो.
6. गणपती पावयतकच माटोळेचो नाल्ल फोडून सगल्यांक वांटचो.
7. कांय कारणांक लागून चवथ उरली जाल्यार फुडल्या म्हयन्यांत आश्विन शुक्ल चवथीक एकाच दिसा गणपतीची मूर्त पुजून राती कडेन विसर्जन करची. सुवेर आसल्यार (भाद्रपद चवथ) हेर कोणाय कडल्यान वा भटा कडल्यान गणपती पुजपाक जाता.

श्री गणपतीची आरत

एकदंता वक्रतुंडा सोबीत त्रिनयना ।
तुजी कृपा दया संकट पयस करता ।
सर्वांगाक सुंदर शेंदूर सोबता ।
गळ्यांत पोंवळ्या माळ माणकां लकलकतात ।।1।।

जय देवा जय देवा जय श्री गणनाथा ।।
दर्शन तुजें जाल्यार मन तृप्त जाता ।। घृ ।।

रत्नसिंहासनार गौरीकुंवर बसला ।
कस्तुरी तिळो गंध आंगाक परमळटा ।
वज्रा मोतयां मुकूट माथ्याक बरो सोबता ।
पांयांत भांगरा चाळ घागऱ्यो खुळखुळटात ।। जय देवा ।। 2 ।।

विशाळ आंगाचेर पितांबर न्हेसला ।
सरळ सोंड मुखार दर्शन सूख जाता ।
दीस गणराया वाट तुजी पळेतां ।
संकटांतल्यान वाटय, सन्मार्गाक तूं पावय, देवाच्या देवा ।।
जय देवा ।। 3 ।।

श्री गणपतीची आरत

सूख दिता - दुख्ख व्हर्ता
आरोग्य आमचें सांबाळटा
देवा गणराया तूं आमकां राखता
पार्वतीचो पूत तूं - म्हादेवाचो आत्मो
देवा गणराया बुद्दीचो वझरो
जय देवा जय देवा जय गणराया जय गणराया
दर्शन तुजें घेतल्यार मन शांत जाता ।। 1 ।।

माथ्यार वज्रांमुकूट आंगार तांबडीं फुलां
ऋद्धी-सिद्धी म्हऱ्यांत सोबीत तूं दिसता

लाडू मोदक दुर्वा शेंदूर तुका आवडटा
पोटान मोटो म्हूण लंबोदर म्हणटात
जय देवा जय देवा जय गणराया जय गणराया
दर्शन तुजें घेतल्यार मन शांत जाता ।।2।।

तुज विणें गणराया पुजेक आरंभ जायना
सगल्या देवां भितर पयलो तुजो मान
आरत आमी तुजी करतां, राखण आमची कर रे
आशिर्वाद आमचेर सदांच आसचो रे
जय देवा जय देवा जय गणराया जय गणराया
दर्शन तुजें घेतल्यार मन शांत जाता ।।3।।

– मंगेश कांत नायक

श्री शंकराची आरत

जय देवा जय देवा जय श्री शंकरा ।
आरत उंवाळटां तुका महेश्वरा ।। घृ ।।
कापरावरी गोरो धवो भस्म सगल्या आंगाक ।
त्रिशुळ डमरू हातांत सर्पा माळ गळ्यांत ।
व्याघ्रांबर आंगार गंगा जटाभारांत।
असो शंकर सोबता कीर्ती त्रिभुवनांत ।। 1 ।।

नृत्य तांडव करता तरी भक्तीक भाळटा ।
वीख अचळय पियेवन संसार सांबाळटा ।
विघ्नां, अरिश्टां हारून दुःखां निवारता ।
शरण येतल्यांक राखता सूख-शांती हाडटा ।। 2 ।।

नित्य घडूं देवा तुजी चरण सेवा ।
शिवभक्तीची गोडी जडू आमच्या जीवा ।
कृपा प्रसादान तुज्या तरून वचूं भवा ।
शरण आयले तुका पाव आतां सदाशिवा ।। 3 ।।



श्री शंकराची आरत

आरत दाखयता म्हादेवा तुका
माघांतल्या महाशिवराते दिसा
सगले लोक दर्शनाक येतात
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 1 ।।

म्हऱ्यांत पार्वती, मांडयेर गणपती
माथ्यार चंद्र सोबीत दिसता
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 2 ।।

गळ्यांत सोरोप हातांत त्रिशूल
माथ्यांतल्यान गंगा भुंयेर देंवता
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 3 ।।

समुद्र मंथनाचें वीख पियेलो
गळो काळो निळो नीळकंठ जालो
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 4 ।।

मार्कंडेयाक जिवीत दिवपाक तूं आयलो
यमार खोंट मारून मृत्यूंजय जालो
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 5 ।।

देवाधी देवा तूं म्हादेवा, काळाचो काल तूं महाकाल
साधू संतांचो तूं राखणदार, दुश्ट दुर्जनांचो तूं कर्दनकाळ
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 6 ।।

सगले आमी तुजें स्तवन करतात रे
सगल्या त्रासांतल्यान तूं आमकां सांबाळ रे
आरत दाखयता म्हादेवा तुका ।। 7 ।।

– मंगेश कांत नायक

श्री दुर्गेची आरत

दुर्गे तुजविण भारी कठीण हो संवसार ।
भक्ताक सांबाळ अंबे कृपा कर आतां ।
वाटय वाटय जल्म-मरणांतल्यान वाटय ।
शरण आयला तुका संकश्टांतलो सोडय ।। 1 ।।

जय देवी जय देवी महिषासुरमर्दिनी ।
हरि हर देवांक राखपी तारक संजीवनी ।। घृ ।।

तिनी भुवनांत सोदल्यार तुजे सारकी कोण ना ।
चारूय वेद थकले सांगूक समजना ।
सय शास्त्रां पडलीं वादांत कोण ती कळना ।
ती तूं भक्तांक मात सहजच पावता ।।2 ।। जय देवी ।। घृ ।।

हांसत मुखान प्रसन्न जाता भक्तांक वर दिता ।
क्लेशांतल्यान सोडयता भवपाश तोडटा ।
अंबे तुजविणे कोणाचोच ना आधार ।
नरहरी पांयां पडटां दया दाखय आतां ।। 3 ।।
जय देवी ।। घृ ।।



श्री दुर्गेची आरत

हे महिशासूर मर्दिनी चिंता तुका भक्तांची (2)
भक्तांक सांबाळपाची

नवरातांतल्यो नवराती
मखरांत बसोवन करता आरती मखरांतलें तें तुजें रुप (2)
पळोवन मन जाता धादोस

पेडणेंची तूं भगवती
कामाक्षी तूं शिरोडेची, शांतादुर्गा कवळेंची (2)
म्हाळसा तूं म्हाड्डोळची

कलकत्त्याची तूं काली
सगल्यांची माँ शेरावली जम्मूच्या दोंगरार तूं रावता (2)
तुका वैष्णो देवी म्हणटात

म्हैसूराची तूं चामुंडा
सगल्या लोकांक तूं सांबाळटा मदुरायची मीनाक्षी (2)
कन्या तूं कन्याकुमारीची

साडेतीन तुजीं शक्तीपिठां
संकश्टांक तूं धांवून येता आमकां सगल्यांक तूं राखता (2)
तुका अश्ट भुजा म्हणटात

म्हादेवाची तूं शक्ती
आमी करतात तुजी भक्ती त्रिलोकाची तू आवय (2)
अरिश्टां जाग्यार बसय
हे महिशासूर मर्दिनी ....

– मंगेश कांत नायक

8471
Devo -> Dev
RAM

KONKANI BHAS ANI SANSKRITI PRATHISTAN (R)
World Konkani Centre
Lok Prabhu Nagar,
Konkani Gaon,
Shaktinagar,
Mangaluru.
575 016.

हिंदू धर्मांतल्यो वर्सावळीच्यो मुखेल परबो

- आशाढ शुक्ल एकादस ते कार्तिक शुक्ल एकादस - चातुर्मास

1. चैत्र - नवें वर्स पयलो दीस - संवसार पाडवो. शुक्ल नम - रामनम-जल्मदीस. पुनव - हनुमान जयंती.
2. वैशाख शुक्ल 3 - अक्षय तृतिया-शूभ दीस - सगल्या कामां खातीर.
3. ज्येष्ठ - पुनव - वडापुनव.
4. आशाढ - आशाढी एकादस.
5. श्रावण - सगले आयतार पुजप. श्रावण शुक्ल पंचम - नागपंचम. पुनव - सुतांपुनव. श्रीकृष्ण-जल्माश्टम-गोकुळाश्टम.
6. भाद्रपद शुद्ध चवथ - गणपती. पंचम - ऋषिपंचम. भाद्रपद शुद्ध चवदा - अनंत चतुर्दस.
7. आश्विन शुक्ल 10 - दसरो, 12 - गुरुदुवादस - वट्ट चतुर्दस -दिवाळी - उमास - लक्ष्मीपुजन.
8. कार्तिक - शुक्ल 11 - एकादस, 12 - तुळशीलग्न - पुनव.
9. मार्गशिर्श पुनव - दत्तजयंती.
10. पौष - मकरसंक्रांत - पाडवो.
11. माघ शुक्ल 4 - गणेश जयंती. शुक्ल 13 - म्हाशिवरात्र.
12. फाल्गुन - शिगमो - पुनव - होळी.
13. वर्साक साडेतीन म्हूर्त : संवसार पाडवो, अक्षयतृतिया, दसरो. अर्दम्हूर्त : श्री लक्ष्मी पूजन. आश्विन उमास.